०५-०५-२०२५

सकाळी : ८.४०

राश्टीय खबरो :

मुखेल खबरो -

२०३६ च्या ऑलिंपिकआदी भारताक खेळा महासत्ता घडोवपाखातीर आपले सरकार वचनबद्ध आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा.

जीनोम-वर्धित भाताच्यो जाती विकसित करपी भारत संवसारातलो पयलो देश थारला.

संरक्षण मंत्री म्हूण सशस्त्र दळांवांगडा काम करप आनी देशाचे वाईट करपाक इत्सूक आशिल्ल्यांक योग्य ती जाप दिवप ही तांची जापसालदारकी, अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांणी म्हळा.

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी महामार्ग मंत्री नितीन गडकरी आयज तेलंगणात ६,००० कोटी रुपयांपरस चड मोलाच्या १४ राष्ट्रीय महामार्ग प्रकल्पांपेकी २८५ किमी लांबायेच्या मार्गाचे उक्तावण करतले.

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती जाल्ल्या खेळात पंजाब किंग्ज पंगडान लखनौ सुपर जायंट्स पंगडाक ३७ धावंड्यांनी हारयले.

## प्रधानमंत्री 'खेलो इंडिया - २००

२०३६ च्या ऑलिंपिकआदी भारताक खेळा महासत्ता घडोवपाखातीर आपले सरकार वचनबद्ध आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा. 'खेलो इंडिया युथ गेम्स २०२५' च्या उक्तावणावेळार व्हिडिओकॉन्फरन्सवरवी ते उलयताले. फाटल्या दसकात आपल्या सरकारन खेळा अर्थसंकल्पात तिपेटीन वाडयले अशेंय तांणी म्हळे. सरकारन ह्यावर्सा खेळांखातीर ४,००० कोटी रुपयांची तरतूद केल्या. खेळांक उर्बा दिवप आनी मुळाव्या सुविधांमदी सुधारणा करप हे सरकारच्या सर्वोच्च प्राधान्य आसा अशेंय तांणी सांगले. आता वर्सभर खेळा सर्त आयोजित करतात आनी राष्ट्रीय शिक्षणिक धोरणात खेळांक अभ्यासाचो वाटो म्हूण मान्यताय दिल्या, अशेंय ते उलयले. सरकार खेळगड्यांक खेळांचे नवे प्रकार सादर करपाखातीर वचनबद्ध आसा अशेंय तांणी सांगले. बिहारातल्यो सुविधा सुधारपाच्या यत्नांविशी उलयताना प्रधानमंत्र्यांनी सांगले, पाटणा-गया महामार्गाचेर एक खेळा शार विकसित करतात. खेळा अर्थव्यवस्था फकत क्षेत्रापुरतीच मर्यादित ना, तर ताचो परिणाम रोजगाराचो नव्यो संद निर्माण करता अशें खेळा संस्कृतीच्या आर्थिक मुद्द्याविशी उलयताना प्रधानमंत्री उलयले. खेळ उद्देजकता, फिजिओथेरपी, डेटा ॲनालिटिक्स, क्रीडा तंत्रज्ञान, ई-स्पोर्ट्स, खेळ माध्यम आनी कार्यावळ व्यवस्थापन ह्यासारख्या क्षेत्रातूंय खेळ नव्यो संद निर्माण करतात अशेंय तांणी सांगले.

१८ वर्सा पिराय सकयल्ल्या खेळगड्यांखातीरची 'खेलो इंडिया युथ गेम्स २०२५' काल बिहारातल्या पटनात एका भव्य सुवाळ्यात सुरू झाली.ही सर्त पाटणा, राजगीर, गया, भागलपूर आनी बेगुसराय ह्या ६ वेगवेगळ्या शारांनी आयोजित केल्या. नवी दिल्लीत सायकलिंग, नेमबाजी आनी ॲथलेटिक्स अशी तीन प्रकारचे खेळाचे आयोजन केला.

गडकरी - १००

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी महामार्ग मंत्री नितीन गडकरी आयज तेलंगणात ६,००० कोटी रुपयांपरस चड मोलाच्या १४ राष्ट्रीय महामार्ग प्रकल्पांपेकी २८५ किमी लांबायेच्या मार्गाचे उक्तावण करतले. ते आयज सकाळी आसिफाबाद जिल्ह्यातल्या कागजनगर एक्स-रोड हांगा चार पदरी राष्ट्रीय महामार्ग-३६३ चे उक्तावण करतले. ते सांजे हैदराबादेत भेल आनी अंबरपेट उड्डाणपुलांचेय औपचारिक उक्तावण करतले. तशेच मंत्री गडकरी तेलंगणात जायते रस्ते रुंदीकरण प्रकल्पांची बुनियाद लेगित घालतले. ते हैदराबादेतल्या अंबरपेटात एका जाहीर सभेत उलोवप करतले.

केंद्र सरकार देशातल्या ९० टक्के जिल्ह्यांनी मुळाव्या सुविधांच्या उदरगतीक प्राधान्य दिता अशें हेवेळार केंद्रीय कोळसो मंत्री आनी भाजपचे तेलंगणा

प्रदेशाध्यक्ष जी किशन रेड्डी हांणी सांगले. हाकालागून उदरगत, ब-यो रोजगार संद वाडटल्यो अशेंय तांणी सांगले.

ICAR – 120

जीनोम-वर्धित भाताच्यो जाती विकसित करपी भारत सवसरतलो पयलो देश ठरला. कृषी मंत्री शिवराज सिंह चौहान हाणी भारतीय कृषी संशोधन परिषद-आयसीएआरन विकसित केलल्या भाताच्या दोन जातींचे अनावरण केले. नवी दिल्लींत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत श्री चौहान हांणी प्रकल्पा कडेन संबंदीत आशिल्ल्या शास्त्रज्ञांक परबीं दिवन देशाक आपल्या शेतकी शास्त्रज्ञांच्या क्षमतायचेर विस्वास आसा अशें सांगलें. भारताची उदरगत करपाच्या प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या संकल्पांत हें संशोधन एक वाट चिरो थारतलें अशें तांणी सांगलें. वाडत्या लोकसंख्येच्यो पोशण गरजो भागोवपा खातीर देशांत उत्पादन वाडोवपाची गरज आसा अशें कृशी मंत्र्यांनी सांगलें. भाताच्यो ह्यो दोनूय जाती फकत शेतकारांक न्हय तर सामान्य लोकांकय फायदेशीर आसात अशें तांणी सांगलें. आंध्र प्रदेश, बिहार, उत्तर प्रदेश, तेलंगणा, कर्नाटक, तमिळनाडू, छत्तीसगड, महाराष्ट्र, अस्तंत बंगाल आनी मध्य प्रदेश ह्या राज्याखातीर ह्यो जाती विकसित केल्यात.

सीतारमन - ९०

ADB म्हळ्यार आशियाई विकास बँकेच्या गव्हर्नर्स मंडळाची ५८ वी वर्सूकी बसका काल इटलीतल्या मिलानात सुरू जाली. ह्या चार दिसांच्या कार्यावळीत अर्थमंत्री निर्मला सीतारमन भारताचे प्रतिनिधित्व करता. ह्या बसकेक एडीबीच्या गव्हर्नर्स मंडळाचे अधिकृत प्रतिनिधीमंडळ आनी तांचे वांगडी आनी आंतरराष्ट्रीय अर्थिक संस्था वाटेकार जाल्यात, अशें अर्थ मंत्रालयान एका निवेदनात म्हळा. ह्या

**बसकेकडेन संबंधित मुखेल कार्यावळीत अर्थमंत्री लेगित वाटेकार जातल्यो. एडीबीच्या ५८ व्या वर्सूकी बसकेवेळार, त्यो इटली, जपान आनी भूतानच्या अर्थमंत्र्यांवांगडा द्विपक्षीय बसकांव्यतिरिक्त, एडीबीचे अध्यक्ष, आंतरराष्ट्रीय कृषी विकास निधीचे अध्यक्ष आनी जपान बँक फॉर इंटरनॅशनल कोऑपरेशनचे गव्हर्नर हांची भेट घेतल्यो. अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन मिलानातल्या भारतीय समुदायाकडेन लेगित संवाद सादतल्यो.**

**LOC - 50**

**काल रातीं जम्मू-काश्मीरांतल्या नियंत्रण रेशे लागसार पाकिस्तानी सैनिकांनी केल्ल्या फारपेटीक भारतीय सैनिकांनी फावो ती जाप दिली. जम्मू-काश्मीरांतल्या कुपवाडा, बारामुल्ला, पुंछ, राजौरी, मेंढर, नोवशेरा, सुंदरबनी आनी अखनूर वाठारांनी शिमे पलतडच्यांन बेछूट फारपेट जाल्ल्याचें संरक्षण सुत्रांनी सांगलें. हाका भारतीय सैनिकांनी रोखडीच फावो अशी जाप दिली. कोणाकच मरण आयिल्ल्याची खबर ना.**

**उपराष्ट्रपती – १००**

**विकसित भारताचा मार्ग हो शेतकारांच्या शेतीचेरुंय निंबून आसा आनी म्हणूनूच शेतकी क्षेत्रात काम करपी संस्था आनी कृषी विद्यार्थ्यांनी शेतकारांच्या जीणेत बदल आनी समृद्धी हाडपाखातीर योगदान दिवप ही तांची जापसालदारकी आसा, अशें उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हांणी म्हळा. ते काल मध्य प्रदेशातल्या ग्वाल्हेरातल्या राजमाता विजयराजे सिंधिया कृषी विद्यापीठात विद्यार्थी आनी**

प्राध्यापकांकडेन संवाद कार्यावळीतउलयताले. शेतकारांनी फकत पीक उत्पादकूंच न्हंय तर कृषी उद्देजक जावपाखातीर यत्न करपाक जाय, अशें तांणी म्हळे. उपराश्ट्रपतीनी कृषी विद्यार्थ्यांक तंत्रगिज्ञान आनी संशोधनाचो उपेग करून कृषी क्षेत्रात बदल घडोवन हाडपाचेय आवाहन केले.

राज्यपाल मंगूभाई पटेल, मुखेलमंत्री डॉ. मोहन यादव, केंद्रीय ईशान्य प्रदेशाचे दळणवळण आनी उदरगत मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया आनी विद्यापीठाचे कुलगुरू प्रा. अरविंद कुमार शुक्ला हे लेगित हाजीर आशिल्ले.

राजनाथ सिंह - ६०

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह आयज नवी दिल्लीत जपानचे संरक्षण मंत्री जनरल नाकातानी हांचेकडेन द्विपक्षीय बसका घेतले. ह्यावेळार दोनूंय वटेन सद्याच्या प्रादेशिक आनी आंतरराष्ट्रीय सुरक्षा परिस्थितीचेर चर्चा करतले अशें संरक्षण मंत्रालयान एका निवेदनात म्हळा. भारत आनी जपानामदी खूप पोरनी इश्टागत आसा.

संरक्षण आनी सुरक्षा हे दोनूंय देशांमदले संबंधांचे महत्त्वाचे खांबे आसात. फाटल्या वर्सा नोव्हेंबरात जाल्ल्या आसियान संरक्षण मंत्र्यांच्या बसकेउपरांत ६ महिन्यांत दोनूंय संरक्षण मंत्र्यांमदली ही दुसरी बसका आसतली.

राजनाथ सिंह - संस्कृती जागरण महोत्सव - १२०

संरक्षण मंत्री म्हूण सशस्त्र दळांवांगडा काम करप आनी देशाचे वाईट करपाक इत्सूक आशिल्ल्यांक योग्य ती जाप दिवप ही तांची  जापसालदारकी, अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांणी म्हळा. नवी दिल्लीतल्या संस्कृती जागरण महोत्सवात ते उलयताले देशाच्यो शीम आनी सैनिकांची सुरक्षा लेगित तांची जापसालदारकी अशेंय तांणी सांगले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला देशातल्या जनतेच्यो सगल्यो इत्सा पूराय जातल्यो, अशेंय तांणी सांगले.

आता पूराय संवसार भारताचे महत्त्व वळखता आनी संवसारीक माचेर लेगित भारताचो आवाज सगले आयकतात, अशेंय संरक्षणमंत्र्यांनी सांगले. भारताची अर्थव्यवस्था आता ११ व्या सुवातेवेल्यान पाचव्या सुवातेर पावन संवसारातली सगळ्यात व्हड अर्थव्यवस्था जाला, अशेंय ते उलयले. २०२७ मेरेन देशाची अर्थव्यवस्था संवसारातली तिसरी सगळ्यात व्हड अर्थव्यवस्था जातली अशी आस्तूंय तांणी उक्तायली. विकसित देश जावपाखातीर भारताक फकत

आर्थिकनदरेतल्यानूंच न्हंय तर  आध्यात्मिक आनी सांस्कृतिकनदरेतल्यान लेगित उदरगत करची पडटली, अशेंय हेवेळार संरक्षण मंत्र्यांनी सांगले.

नड्डा - १४०

Know BJP उपक्रमांखाला केंद्रीय मंत्री आनी भाजपाचे अध्यक्ष जगत प्रकाश नड्डा हांणी काल नवी दिल्लीत अंगोलाचे राश्ट्राध्यक्ष जोआओ  लॉरेन्सो हांची भेट घेतली. ह्या बसकेवेळार, मंत्री नड्डा हांणी आफ्रिकन युनियनच्या अध्यक्षपदाची सूत्रे स्वीकारल्याबद्दल अध्यक्ष लॉरेन्सो हांका परबी भेटयली. तांणी भाजपच्या संघटनात्मक रचनेविशी आनी पक्षाच्या उपक्रमांविशी माहिती दिली आनी वेगवेगळ्या समुदायांमेरेन पक्षाचो समावेशक पाविल्ल्याचे सांगले. परस्पर संबंध घटमूट करपाखातीर भाजप आनी पॉप्युलर मुव्हमेंट फॉर द लिबरेशन ऑफ अँगोला (MPLA) हांच्यामदी प्रतिनिधीमंडळ पावंड्यार दिवप घेवप सुरू करपाचो प्रस्ताव लेगित तांणी मांडलो.

ह्या संवादावेळार, बायला आनी भूरग्यांसयत समाजातल्या असुरक्षित घटकांक सक्षम करप हे मुखेल हेत आशिल्ल्या प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सरकारच्या मुखेल भलायकी सेवा येवजण्यांचेर हेवेळार खासा चर्चा जाली. दोनूंय फुडा-यांनी फाटल्या दशकात भारत आनी अंगोला हांच्यामदल्या द्विपक्षीय संबंधांत जाल्ल्या स्थिर प्रगतीची नोंद घेतली आनी खासा भालायकी क्षेत्रात सहकार्य आनीक घटमूट

करपाच्या शक्यतांयेंचेर चर्चा केली. राष्ट्राध्यक्ष लॉरेन्सो २ मेक रोजी तीन दिसांच्या भारत भेटीयेर नवी दिल्लीत आयिले.

IMD – 85

भारतीय हवामान खाते (IMD)न आयज गुजरात, आंध्र प्रदेश आणि ओडिशात उटनगराच्या पावसाचो अदमास उक्तायला. फाल्यां मेरेन बिहार, ओडिशा, हिमाचल प्रदेश, झारखंड, जम्मू-काश्मीर, उत्तराखंड, आसाम, मणिपूर आनी अस्तंत बंगालांत गडगड, जोगला मारून आनी वादळीवाऱ्या संयत मध्यम पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. केरळ आनी माहे हांगा उश्ण आनी दमट हवामानाची परिस्थिती पातळपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलें. उदेंत राजस्थानाच्या कांय वाठारांनी आयज धुल्लाचे वादळ जावंक शकता. हवामान एजन्सीच्या म्हणण्या प्रमाण आयज छत्तीसगढ, उदेंत मध्य प्रदेश, गुजरात, ओडिशा आनी उत्तराखंडात गारपीट जावपाची शक्यताय आसा.

आयपीएल - १००

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती जाल्ल्या खेळात पंजाब किंग्ज पंगडान लखनौ सुपर जायंट्स पंगडाक ३७ धावंड्यांनी हारयले. पयली फलंदाजी करताना पंजाब पंगडान निर्धारीत २० शटकात २३६ धावंड्यो केल्ल्यो. पंजाब किंग्जच्या प्रभसिमरन सिंग हांणे ९१ धावंड्यांचो बेसबरो खेळ केलो. उपरांत लखनौ सुपर जायंट्स पंगडाक मेळील्ले २३७ धावंड्यांचे मोख साध्य करप शक्य जाले ना. तांणी निर्धारित २० षटकांत ७ बाद १९९ धावंड्योच केल्यो.

तेआदी जाल्ल्या आनीक एका खेळात कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडान राजस्थान रॉयल्स पंगडाक एका धावंण्यान हारयले. ह्या जैता उपरांत कोलकाता नाईट रायडर्स पंगड आता गुणतालीकेत सव्या सूवातेर पावला.

आयज सनरायझर्स हैदराबाद पंगड दिल्ली कॅपिटल्स पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ सांजे ७:३०क जातलो.